# भुरग्यांचीं कोंकणी लोकगितां

● प्रकाश पर्येकार
प्रपाठक,
गोंय विद्यापीठ

कोंकणी लोकवेदांत लोकगितांचें दालन खुबूच सबुद्द आसा. गीत हें मनशाचें अभिव्यक्तीचें एक म्हत्वाचें माध्यम. गितां वरवींच ताणें आपले अभिव्यक्तीक वाट मेकळी करून दिल्या. ताका आपूण एकटो आसां अशें दिसलां तेन्ना तो स्वता खातीर गावपाक लागला. ज्या वेळार तो सगळ्यां मदीं रावला तेन्ना तो सगळ्यां वांगडा गायलां नाचला. ह्या गायनान ताका दिला विसंगुळो. ताच्या मनाक दिल्या थाकाय आनी आनंद. ताणें खोशयेन अंतस्मूख जावन गायलां आनी आपली अणभवसंपन्न जीण समाजा मुखार उक्तायत आयला.

लोकवेद ही समुहाची निर्मिती. तें तांच्यांनी जतन करून दवरलां आनी फुडले पिळगेक भेटयलां. बालगितांचेंय तेंच जालां. एके आवयन गायिल्लीं वा भुरग्यांच्या पंगडान गायिल्लीं गितां अशींच एके पिळगे कडल्यान दुसरे पिळगे कडेन पावल्यांत आनी तांच्या ओंठार तांचींच जावन घोळपाक लागल्यांत.

भुरग्यांच्या गितांचे मुखेलपणान दोन प्रकार मेळटात. एक भुरग्यां खातीर गायिल्लीं आनी दुसरीं भुरग्यांनी गायिल्लीं. ह्या दोन प्रकारांच्या गितांचे आमच्यांनी आल्लय, पाळण्या गितां, खेळगितां, बडबडगितां आनी शिगमो गितां (अलक गितां) अशे ताचे वांटे घालूं येतात.

कोंकणींतल्या कांय वेंचीक बालगितांचो आदार घेवन त्या गितांचो उद्देश, संदर्भ, तांचें म्हत्व आनी गितांतले भाशेचेर हांवें म्हजे विचार उक्तायल्यात. भुरग्याची आवय त्या भुरग्यांच्या मानसशास्त्राचो थाव घेता. ती ताचे आवडीचो सोद घेता आनी गितांची निर्मिती करता. कारण तीं भुरगीं एका विशिश्ट अशा परिसरांत ल्हानाचीं व्हड जाल्लीं आसतात. तांचेर परिसराचो प्रभाव पडिल्लो आसता. तीं नकळटां त्या परिसरांत एकरूप जाल्लीं आसतात. भुरग्यांक कळपाक लागतकच तीं आपल्या परिसराची वळख करून घेवपाक धडपडटात.

भुरग्यांच्या गितांतले शब्द हे सादे आनी उच्चारपाक सोंपे आसतात. त्या शब्दां भोंवतणीं संगीत आसता. हें संगीत खूब ओडलायणें आनी कर्णमधूर आसता. तें परत परत आयकत रावचेंशें दिसता. सान भुरग्यांक गितां आवडटात. ती खाशेलें लक्ष दिवन गितां आयकतात. ह्या संदर्भात एका आल्लय गिताची देख तुमचे मुखार दवरतां. आपलें भुरगें न्हिदेक वा हेर कारणांक लागून रडटा अशा वेळार हें गीत भुरग्याची आवय गायता. ललबाय्स (पाळण्या गितां / आल्लय गितां)

बाय म्हाजें गुणुलें
मायेमोगाचें शाणुलें...
चंदामामा येयला पळय
बाय व्हरूंक तुका....

ह्या गितांतले आवयची भुरग्याविशीं आशिल्ली माया उक्ती जाता जाल्यार दुसऱ्या अर्दान त्या तानुल्या भुरग्याचो मामा जावन आंगणांत खेळपाक येता. चंद्र आनी मनशाचें नातें कदीमकाळा सावन चलत आयलां. लोकवेदांत चंद्र हो वेगवेगळ्या रुपांनी आयिल्लो पळोवंक मेळटा. ह्या गितांत आवय आपल्या भुरग्याक तुजो मामा तुका व्हरूंक येतलो अशें सांगून त्या भुरग्या चंद्राकडेन एक वेगळें नातें प्रस्थापीत करता.

चंद्र भुरग्यांक आवडटा. तीं चंद्राक तोखेतात. मागीर त्या भुरग्यांचे मळबांतल्या चंद्राकडेन संवाद चालू जातात. आनी मागीर करतां करतां मळबांतल्या ब्रम्हांडाची तांकां वळख आपशींच घडपाक लागता. ल्हान भुरग्यांक गाय, म्हस, माजर आनी सुणों हे पाळीव प्राणी आवडटात. मोर, कोवळो, कीर, वाग, हती, कोलो, माकड असलीं रानवटी सुकणीं-सावदांय आवडटात. मोर, कावळो आनी माकड तांकां पळोवपाक आवडटा. पाळीव प्राण्यां भितर गाय आनी माजर आवडीचीं. भुरग्यांक गाय ल्हवूच स्पर्श करपाक आवडटा. जाल्यार माजराकडेन तांकां खेळपाक आवडटा. कोंकणींतले कुरूकुरू काना, म्हशी गेल्यो राना... ह्या गिताक बालमनांत एक वेगळी सुवात फावो जाल्या. गोंयांत वेगवेगळ्या वाठारांत ह्या गिताची शब्द मांडावळ वेगवेगळी आसली तरी हें गीत म्हणपाची पद्दत लागीं लागीं एकूच आसा वा तातूंतलें लोकसंगीत एक आसा.....

कुरूकुरू काना
म्हशी गेल्यो राना
आमूड गवळ्या मामा
बायचीं आमच्या हामां...

कुरू कुरू काना
म्हशी गेल्यो राना
बायच्या आना (काका)
घरा येवंक सांग.

ह्या गितांत म्हशी आसात. भुरग्यांक आवडपी गवळीमामा आसा. आनी ताचे भायर त्या गितांत ल्हान बायचीं हामां लेगीत आसात. गोरवां आनी म्हसरां हें आमचे कृषी संस्कृतायेचें एक आंग. गोसंस्कृतायेचो स्पर्श

आशिल्लें हें गीत ल्हान भुरग्यांक ग्राम जिणेचें दर्शन घडयता. कारण लोकवेदांतल्यान ल्हान पिरायेच्या भुरग्यांक आपल्या निजाच्या दायजाची वळख जाता. सरभोंवतणच्या वाठाराची तांकां तोंडवळख घडटा.

भुरगें स म्हयन्यांचें जातकच आवय तांकां भरोवपाक लागता. वर्स जाता म्हणसर त्या भुरग्याक आपल्या भोंवतणच्या विश्वाची हळू हळू वळख जावपाक लागता. ताका थोडी थोडी जाण येता. वयलीं दोनूय गितां हीं एक वर्स पिरायेच्या भुरग्याक खेळयतना म्हणपाचीं. कांय वेळार भुरगें जेवपाक पळयना. तें एकासारकें रडटा. अशा वेळार भुरग्याची आवय ताका मांडयेर बसयता वा आपले हांडीर घेवन ती ताका माम भरयता. आनी माम भरयतां भरयतां ती गावपाक लागता.

योगे तूं गायी
खा गे कुंडो–मांडो
बायूक दी गो उंडो
त्या लोणियाचो....

बायू आमचें खेळे
खळ्याचे गो पेळे
जेवणाचे वेळे
बायूक साद घाला गो....
बायू आमचें खेळे
वडाचे गे सावळे
गुणाचे मावळे
बायूक साद घाला गो....

ह्या गितांतलें संगीत मनाक भुरळ घालता. भुरग्यांचे आवयच्या अंतस्करणांतल्यान आयिल्ले हे म्हवाळ, मायेस्त अशे कर्णमधूर स्वर भुरग्याच्या कानाक थाकाय दितात आनी तें जेवपाक लागता. केदी व्हडली तांक आसा ह्या गितांनी!

वयल्या गितांनी गाय, कुंडो, लोणी, कांबळ, खळें (आंगण), वड, मावळो (मामा) अशा लोकजिणेंतल्या कांय म्हत्वाच्या व्यक्तींची, जनावरांची, रुखांची, पदार्थांची तशेंच विशिश्ट सुवातांची तोंडवळख करून दिल्या. भुरगें जशें जेवणाच्या वेळार रडटा तशेंच तें न्हिदेच्या वेळार लेगीत रडटा. तें मस्ती करता. तें रागार जाता. फुगार जाता... आवयक दिसता आपलें भुरगें वेळार न्हिदचें. अशा वेळार मांडयेर घालून ती ताका न्हिदोवपाचो यत्न करता. पाळण्यांत घालून ताका ती झोप काडटा. आनी मागीर आपल्या म्होंवाळ आवाजान गावपाक लागता.

यो गे तूं न्हिदे
न्हिदेच्या गो वेळा
बायुच्या खेळा बा
रात्र जाली गो....

जय बाळा जय
जई करीन तुका
पाळणें बांदलें रुखा
चंदनाचें....
चंदनाच्या पाळण्या
रेशमी दोरी
झोप काडटी गोरी
बाबाक आमच्या....

भुरग्याक इकराव्या दिसा पाळण्यांत घालतात. कांय कडेन भुरग्याक बारशा दिसा म्हळ्यार बारशाक पाळण्यांत घालतात. आपल्या घरांत जल्मल्ल्या भुरग्याची तुळा बालराम तशेंच बालकृष्णा कडेन करतात आनी त्या तानुल्या भुरग्याक सन्मानपुर्वक पाळण्यांत घालपाचो विधी जाता. ह्या वेळार गांवांतल्यो बायलो एकठांय येवन गीत गायनां करतात. देखीक :

बाळा जो जो रे –२
विनविती येशोदा –२
न्हिदे बाळा ऽऽ न्हिदे बाळा पाळण्या बाळाचें पाळणें –२
तेका पडली ऽऽ शंबर वांवां दोरी ऽऽ बाळा जो जो रे –२
विनवती येशोदा –२
न्हिदे बाळा ऽऽ न्हिदे बाळा पाळण्या ऽऽ बाळा जो जो रे – २

भुरगीं व्हड जातकच तीं स्वता खेळपाक लागतात. मुखार मातशी व्हड जातकच तीं दुसऱ्यांक सांगाताक घेवन खेळटात आनी आपल्या विश्वात रमून वतात. आमच्या गितांचेकच ल्हान ल्हान खेळ गितां संख्येन चड आशिल्लीं पळोवंक मेळटा. हांगा तीं गितां तांच्यो आवयो वा घरचीं तांचे खातीर गायनात. भुरगीं स्वता गावपाक लागतात. ह्या गितांनी स्वताची अशी खाशेली निर्मणी पळोवंक मेळटा. खेळगितांतल्यान तांचे प्रतिभेचो आमच्यांनी थाव घेवं येता. हीं गितां तांचें मन प्रसन्न दवरतात. तांकां आनंद दितात. भुरगीं धांवचेल्यांनी खेळटना तीं म्हणटात :

आट पाट चंदन पाट
तो बग तुजो मामा येयला
आतां धर माजी फाट...

आपा लिपा, साय लिपा,
सायचो गोंडो सोदून काड
हातांत दी गो मुऽऽदी
चल घोवाचे सोदीऽऽ

सत्तरी म्हालांत शिगमो पांच ते सात दीस मनयतात. ह्या रोमटाच्या दिसांनी अल्लक मागपाची परंपरा आसा. भुरगीं तशे जाणटे लोक जण एकल्याच्या आंगणांत आपल्या आंगांत आशिल्ली कला सादर करतात. लजयाळे ल्हान भुरगे आपल्या तोंडाक म्होंवाळें घालून कसलेंय चार वळींचे गीत (शिगमो गितां) लजतूच सादर करतात आनी अल्लक मागतात. देखीक :

आयनाच्या मायना
घेतल्या बगर जायना केकेऽऽ
आयनाच्या मायना
घेतल्या बगर जायना पैसाऽऽ

तारी वलयें सुकणें
हालयता बुकाणें
आमी येयल्यांत वर्सान
घालात आमच्या बोल्सांत

ह्या गितांत सुकण्याचो संदर्भ आयला. गांवांतले भुरगे सुकण्यांक सदांच पळयतात. तांच्यो हालचालीय ते बारीकसाणीन नियाळटात. होच ताचो अणभव तांच्यांनी

वयल्या गितांतल्यान मांडला.

शिगम्यांत दादल्यांचो सहभाग आसता जाल्यार फुगडी तशेंच धालांनी बायलांचो सहभाग आसता. चवथीच्या वेळार बायलो उत्साहान फुगडी घालतात. फुगडी नाचाचे साबार प्रकार आसात. पूण ह्या प्रकारां भितर निसर फुगडी आनी कचो फुगडी ल्हान चलयां भितर खूब फामाद आसा. निसर फुगडी ही बसून घालतात जाल्यार कचो फुगडी ही उबी रावून हातांत हात घालून गोल फिरत घालतात. देखीक :

निसर फुगडी निसणाची, निसणाची
बायल आमच्या किस्णाची,
किस्णाची....(कृष्णाची)
किस्णा गेला माहेरा माहेरा
आमचेची पार्वती पायाला पायाला...
फूऽऽफूऽऽफूऽऽ

फस्काची काडी पेटाना, पेटाना
मैत्रीण म्हाका भेटाना, भेटाना....
फस्काची काडी पेटली, पेटली...
मैत्रीण म्हाका भेटली, भेटली...
फूऽऽफूऽऽफूऽऽ

हांवें वयर म्हणलां तशें ल्हान भुरग्यांचें वेगळें अशें जग आसता. कारण तांचें एक खाशेलें मानसशास्त्र आसता. त्या मानसशास्त्राक धरून तीं वागतात. तांच्या गितांतली भास सादी आनी सोंपी. तातूंतले शब्द सोंपे. वाक्यरचना सादी आनी सुटसुटीत. तीं उलोवंक लागतकच तांचे खाशेले विकसीत भाशेंत उलयतात. आवय, बापूय आनी घरचीं तांचे कडेन तेच भाशेन उलयतात. देखीक:

वागमाम Tiger, वानरमाम Monkey, कोलोदादा Fox, Dog कुत्तु, बिलू वा म्यॉव Cat, काको Crow, हामा Cattle, खाऊ Eatables, भोबो Baked Food, माम माम Food, दुदू Milk, उदक Water, गोडू Sweets, झिजी Shit , मुती Urine, घुसू Bath, मेमें fish, चांदीमाम Moon, केळें Banana, उटी Getting Up, बशी Sitting Down, चली-चली To walk, पापी Kiss, ताता To Slip , पापा Chapati/Bakari, ओकू Medicine, पापूड Cloth, हाऊ Snake Or Insects, देवबाप्पा God, फापू Flower, हाई Danger, भुबू Cuts, पींक पींक Wound Motor , गिली गिली Rotating Object, भुव्वा या Want to go out of the House.

आयच्या ह्या आधुनीक काळांत आल्लय आनी पाळण्या गीत गावपी आवयो खूब उण्यो मेळटात. शारांत तर ह्या आवयांची संख्या शुन्याक तेंकपा कडेन पावल्या. आधुनीक साधन सुविधांक लागून आनी इलॅक्ट्रॉनीक माध्यमांक लागून ह्या लोकगितांचो आयच्या आवयांक आनी भुरग्यांक विसर पडपाक लागला. एक संकुचीत भावना आवय भुरग्यांच्या मनांत उत्पन्न जावपाक लागल्या. ही परंपरा समूळ नश्ट जावचे पयलीं जण एकले आवयन आल्लय काळजांत किल्लोवन काडपाक जाय आनी भुरग्यांनी आपलीं बालगितां आनंदान गावपाक शिकपाक जाय. जायत व्हय हें आमचे कडेन?

